**<u>प्रधानमंत्र्याच्या भेटीच्या फाटभुंयेर येरादारीची वेवस्था</u>**

ता. 9 फेब्रुवारी 2022

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी फाल्या ता. 10 फेब्रुवारी 2022 दिसा बोडगिणी म्हापसा हांगा भौशीक सभेक उपस्थित रावपा खातीर गोंयांत येवपाचे आसात. ते खातीर सकयले प्रमाण येरादारीची वेवस्था केल्या- सभेक पर्वरी वटेनच्यान येवपी बसी ग्रीन पार्क जक्शना कडच्यान कणका पर्रा रस्त्यान वळयतले आनी गांधी सर्कला कडेन येवन नव्या कदंब बस स्टॅण्डार पार्क करतले. तशेंच सभेखातीर येवपी वाहनांखातीर नव्या बसस्टॅण्डा कुशीक आशिल्ल्या उकत्या जागेत, बोडगिणी सामकारच्या आनी बोडगिणी हॉला फाटल्या उकत्या जागेत पार्किंग आसतले. गांधी सर्कलाकडल्यान म्हापसा शाराभायर वचपी वाहनां पर्रा कणका मार्गान वळोवपात येतली.

तशेंच वाहन चालकांनी आपली वाहनां अतिमहनीय व्यक्तिंच्या मार्गांचेर पार्क करची न्हय आनी प्रधानमंत्र्यांच्या भेटीवेळार सुरळीत येरादारी खातीर येरादारी पुलीसांक सहकार्य करचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/106

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji